# Panaji _7.20 pm -Regional_11/05/2025

**गोंयांत एलर्ट**

देशांत निर्माण जाल्ले झुजासारक्या परिस्थितींत गोंय पुलीस हाय अलर्टाचेर आसात. राज्यांतल्या म्हत्वाच्या सुवातींनी, पर्यटन थळां, दर्यादेग आनी हेर संवेदनशील सुवातींनी पुलीस सुरक्षा वाडयल्या. खास करून दर्यादेगेवेल्या पुलीस आनी पर्यटन पुलिसांक दुबावीत गजालींचेर बारीक नदर दवरपाचो आदेश दिला. विमानतळ, रेल्वे स्टेशनां, बस स्टँण्ड, बाजारपेठे आनी हेर गर्दीच्या सुवातींनी अतिरिक्त सुरक्षा तैनात करतले, अशी माहिती पोलिसां कडल्यान मेळ्ळी.मेळिल्ले म्हायती प्रमाण, झुजा सारकी परिस्थिती पळोवन भारतीय राखीव बटालियन (आयआरबी) आनी गोंय पुलीस हांचो सुटयो रद्द केल्यांत. आणीबाणीच्या वेळार मनीसबळाचो उणाव येवचो न्हय हे खातीर हो निर्णय घेतलां. ते प्रमाण बॉम्ब विरोधी पंगड, आतंकवाद विरोधी पंगड आनी सुरक्षा खात्याक अतिरिक्त कर्मचाऱ्यांची वेवस्था केल्या. बिराडकार रावप्यांची आनी विदेशी नागरिकांची व्हड प्रमाणांत तपासणी मोहीम पुलिसांनी सुरू केल्या.पुलिसांनी सुरू केल्ल्या खाशेल्या मोहिमेत आतां मेरेन 600 विदेशी नागरिकांची तपासणी केल्या. तशेंच 22,229 बिराडाक रावपी, 556 अनवळखी व्यक्ती, 515 काश्मीरी व्यक्तींची तपासणी केल्या. 2,467 दुबावीत लोकांक ताब्यांत घेतले.

**प्रमोद सावंत**

मुखेल मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं आयज आमोणेच्या पंचायतीच्या नुतनीकरण केल्ल्या ईमारतीचें अटल टिंकरींग ब्लोक,आनी वेस्ट स्टोरेज शेडिचें उक्तावण जालें.मुखेलमंत्र्यांचे हस्तूकीं आर्टिफिशीयल टर्फ,आनी सरकारी विध्मालयाच्या खेळामैदानाच्या नुतनीकरणाच्या कामाचो ताणी बुनयादी फातर बसयलो.कार्यावळी उपरांत ताचे हस्तुकीं गोंय शालांत मंडळाच्या परीक्षेंत पास जाल्ल्या विध्यार्थ्यांचो भोवमान जालो तशेंच मुखेलमंत्र्यानी विध्यार्थ्यांक वेदांत उत्कर्श शिश्यवृत्यो भेटयल्यो.

**प्रधानमंत्री**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज नवी दिल्लींतल्या आपल्या निवासस्थानाचेर उच्च पांवड्यावेली बसका घेतली. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग, परराश्ट्र मंत्री डॉ.काल दोनूय देशांचे लश्करी कारवाय महासंचालक (डीजीएमओ) एकामेकां कडेन उलयले उपरांत दोनूय देशां मदीं जाल्ल्या झुजबंदी उपरांत ही बसका जाल्या. फाल्यां दोनूय देशांचे डीजीएमओ परतून उलोवपाचे आसात. पाकिस्तानान केल्ल्या युद्धविराम उल्लंघनाची नवी दिल्ली सामकी गंभीरतायेन दखल घेता अशें परराश्ट्र सचीव विक्रम मिस्त्री हांणी काल रातीं पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें. सशस्त्र दळ परिस्थितीचेर खर नदर दवरतात आनी आंतरराष्ट्रीय शिमेचेर तशेंच नियंत्रण रेशेचेर उल्लंघन जाल्यार खंयच्याय घडणुकेक खरपणान वागपाची सुचोवणी दिल्या अशें तांणी सांगलें.

**राजनाथ सिंगा**

ऑपरेशन सिंदूर ही फकत लश्करी कारवाय न्हय तर भारताचे राजकी, समाजीक आनी रणनितीचे इत्सेचें प्रतीक अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंगान सांगलें. लखनौ हांगा ब्रह्मोस एरोस्पेस इंटिग्रेशन आनी चांचणी सुविधाचें अक्षरशः उक्तावण केल्या उपरांत संरक्षण मंत्र्यान अशें सांगलें.ऑपरेशन सिंदूर हो आतंकवादा आड भारताची घटमूट इत्सा आनी तशेंच लश्करी सत्तेची तांक आनी निश्चीतताय दाखोवपी अशें संरक्षण मंत्र्यान सांगलें. भारत जेन्ना जेन्ना आतंकवादाचेर कसलीचकारवाय करतलो तेन्ना तेन्ना शिमेचेर आशिल्ली जमीन लेगीत आतंकवाद्यांक आनी तांच्या मालकांक सुरक्षीत उरची ना हें देशान दाखयलां.ब्रह्मोस विशीं उलयतना संरक्षण मंत्र्यान सांगलें, ब्रह्मोस हो भारत आनी रशियेच्या उंचेल्या संरक्षण तंत्रगिन्यानाचो संगम. जशें आमचो उत्तर प्रदेश प्रयागराजांतल्या 'संगम' खातीर संवसारभर वळखतात तसोच फुडल्या काळांत लखनौय ह्या तंत्रगिन्यानाच्या संगमा खातीर वळखूंक मेळटलो. येवपी काळांत ताका लागून प्रत्यक्ष वा अप्रत्यक्ष रोजगाराची संद निर्माण जातली आनी हो प्रदेश वाडपाचें केंद्र म्हणून उदेतलो.

**राष्ट्रीय तंत्रगिन्यान दिसा**

राष्ट्रीय तंत्रगिन्यान दिसा, आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आपलीं शुभेच्छा मांडल्यांत. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यान सांगलां की हो दीस देशांतल्या शास्त्रज्ञांचो अभिमान आनी उपकार उक्तावपाचो आनी 1998 वर्साच्या पोखरण चांचण्यांचो उगडास करपाचो. भारताच्या वाडीच्या प्रक्षेपवृत्तांत, खास करून देशाच्या आत्मनिर्भरतेच्या सोदांत तीं एक म्हत्वाची घडणूक अशें तांणी सांगलें. आमच्या लोकांनी चालना दिवन भारत तंत्रगिन्यानाच्या वेगवेगळ्या आंगांनी जागतीक फुडारी म्हूण उदेता, तें अंतरिक्ष, एआय, डिजिटल नवनिर्माण, पाचवें तंत्रगिन्यान आनी हेर गजालींचो उल्लेख श्री मोदी हांणी केलो. विज्ञान आनी संशोधनांतल्यान फुडल्या पिळग्यांक सशक्त करपाची वचनबद्धताय देश परतून दाखयता अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. तंत्रगिन्याना वरवीं मनीसपणाची उदरगत जातली, राष्ट्राची सुरक्षीतताय मेळटली आनी फुडाराची वाड जातली अशी ताची इत्सा आशिल्ली.

**भार्गव टेंगसे**

विचार बरे आसल्यारूच आचरण बरें जातलें आनी ताचे वरवीं विद्यार्थी आपली प्रगती करपाक शकतलो अशें वेदमूर्ति भार्गव टेंगसे हांणी स्पश्ट केलें. श्री विजयादुर्गा देवस्थान आनी सांस्कृतीक मंडळान फोंडा तालुक्यातल्या केरी गांवांत आयोजीत केल्ल्या २१ दिसांच्या निवासी प्राथमीक ब्रह्मचर्य वर्गाच्या समारोप सुवाळ्यांत ते आयज उलयताले. सगळ्या विद्यार्थ्यांनी वेदांचो अभ्यास केल्यार बरें, पूण अशा प्राथमीक ब्रह्माचार्यश्रम वर्गाचो आमच्या व्यक्तिमत्वाच्या विकासा खातीर हेर जायते फायदे आसात अशें तांणी सांगले. श्री विजयदुर्गा देवस्थानाचे अध्यक्ष माधव सहकारी आनी सांस्कृतीक मंडळाचे अध्यक्ष मनोहर देसाय हांणीय आपले विचार मांडले. ४८ बटूंनी ह्या २१ दिसांच्या प्राथमीक ब्रह्मचर्य वर्गांत वांटो घेतील्लो. वेदमूर्ती मयुरेश काणे आनी भूषण ठाकुर देसाय हांणी अध्यापनाची जापसालदारकी घेतली.

**हवामान**

भारतीय हवामान खात्यान उक्तायल्या अदमासा प्रमाण फावोश्या वातावरणाक लागून मान्सून केरळांत २७ जून मेरेन पावतलो.मान्सुनाक केरळांतल्या न गोंयांत पावपाक ४तें५दीस लागतात.हाकालागून मान्सून केरळांत पावपाचो अदमास खरो थारलो जाल्यार तो गोंयांत १तेर जुन मेरेन पावपाक शकता.पोरूं गोंयांत ४जुनाक मान्सून पाविल्लो.ईतले मजगतीं हवामान खात्यान दिल्ल्यान म्हायती प्रमाण पणजेंत चडांत चड तापमान ३५अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान२७ अंश सेल्सियस नोंद जालां.फुडले स दीस गोंयांतलें चडांत चड तापमान ३५अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणें तापमान २७ अंश सेल्सियस मेरेन आसपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.हया काळांचडांत चड तापमानांत व्हडलो बदल जावपाची शक्यताय ना अशें खात्यान स्पश्ट केलां.गोंयांत १२ तें १४ मे मेरेन वार्याचो वेग वराक ४५ तें ५५ किलोमीटर मेरेन पावपाची शक्यताय आसा.हे खातीर नुस्तेंमार्यानी दर्यात वचचें न्हय अशें खात्यान कळयलां.गोंयांत १ मार्च ते १० मे मेरेन सरासरी १३.६मिलीमीटर पावसाची नोंद जाल्या.

**गोविंद मोहन**

केंद्रीय घर सचीव गोविंद मोहन हाणी पाकिस्तानाकडेन शिमो वाटून घेवपी राज्यांच्या मुखेल सचिवांची व्हिडिओ कोन्फरंसींगा वरवीं बसका घेतली.शिमेपलतडच्यान फारपेट जाली जाल्यार तांकां शादूर रावपाक तशेंच तांच्या वाठारांत नागरी संरक्षण यंत्रणा सक्रीय करपाक सांगलां म्हणपाचें सुत्रांनी सांगलां.भारत आनी पाकिस्तानान झुंजबंदी जाहीर केल्या उपरांत कांय वरां भीतर उल्लंघनाची घडणूक घडली इतलें मजगतीं काल पाकिस्तानावांगडा जाल्ल्या समजीकायेचें परतून परतून उल्लंघन जालां आनी सशस्त्र दळ हया उल्लंघनांक फावो तो प्रतिसाद दियात आसा अशें विदेशी सचीव विक्रम मिसौरी हाणी खबराकारांक म्हायती दितना म्हळां.